**<u>उपमुख्यमंत्र्याहस्तुकीं पेडण्या शार आनी नगर नियोजन खात्याच्या कार्यालयाचे उक्तावण</u>**

ता. 11 ऑगस्ट 2021

उपमुख्यमंत्री श्री चंद्रकांत कवळेकर हांणी आयज पेडणे हांगा शार आनी नगर नियोजन खात्याच्या नव्या कार्यालयाचे उक्तावण केले.

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, मांद्रेचे आमदार श्री. दयानंद सोपटे, पेडणेच्यो नगराध्यक्षा श्रीमती उषा नागवेकर आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार हाजिर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. कवळेकर हांणी शार आनी नगर नियोजन खात्यावतीन लोकांक पारदर्शक आनी तत्काळ सेवा दिवपाखातीर साबार उपाय केल्ल्याचे सांगलें. शार आनी नगर नियोजन खात्याबाबतीत लोकांच्यो सदाच कागाळीं आसताल्यो, पुण आता लोकांक बरी सेवा मेळपाक लागल्या, अशें सांगले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला सरकारान शेतकारांच्या फायद्याखातीर साबार येवजणो सुरू केल्ल्यो आसून लोकांक ह्या येवजणांचो लाव घेवपाखातीर ऑनलायन सुविधा सुरू केल्ली आसा. लोकांनी आपल्यो जमनी सांबाळून दवरून शेती वेवसायावांगडाच सैमाचीय राखण करची, असो सल्लोय ह्या वेळार श्री. कवळेकर हांणी दिलो.

उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी शार आनी नगर नियोजन खात्याच्या नव्या कार्यालयाचो थळाव्यां लोकांक बरो फायदो जातलो म्हणपाचे सांगून अधिकाऱ्यानी थळाव्यां लोकांकडेन सलोख्याचे संबंध राखपाचे आनी पेडणे तालुक्यातल्या वेगवेगळ्या सौदर्यीकरण प्रकल्पांच्यो फायली मंजूर करून विकासाच्या कामाक सहकार्य करपाक सांगले.

आमदार श्री. दयानंद सोपटे हांणी पेडणे तालुक्यात शार आनी नगर नियोजन खात्याचे कार्यालय सुरू जाल्लेखातीर समाधान उक्तायले.

सुरवेक मुख्य शार नियोजक श्री. मॅथ्यू जेम्स हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/671

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji